panaji regional

4 march 2026 at 7.25 am

काल पुराय गोंयभरात होळयेची परब उमेदिन manyli. मुखेलमंत्री डॉ.प्रमोद सावंत हाणी आपले कुटुंब आनी इश्टां वांगडा एकमेकांक गुलाल लावून होळी मनयली . मजगती पणजी सयत पुराय राज्यांत वेगवेगळ्या देवळांनी पारंपारीक धर्मीक विधी करून होळी आनी धुलवड मनयली. पणजेंत सोमारा सांजवेळार महालक्ष्मी संस्थान आनी गुजराती समाजान होलीका दहन करून होळयेची सुरवात केली. काल सकाळीं पणजी शिगमोत्सव समितीच्या शिगमोत्सवाची सुरवात धुलवडीन जाली. राज्यसभेचे खासदार सदानंद तनवाडे आनी समितीचे पदाधिकारी हया वेलार हाजीर आशिल्ले. इतले मजगती सांखळींत रवींद्र भवनान आयोजीत केल्ल्या रंगोत्सव 2.0 होळी कार्यावळीक थळाव्या लोकां सयत भोंवतणच्या वाठारातल्या लोकांचो व्हड प्रतिसाद मेळ्ळो. मुख्यमंत्री डॉ.प्रमोद सावंतय ह्या कार्यावळीत वाटेकार जाल्ले

फातोड्डे मडगाव हांगा श्री दामबाब लिंग देवळा मुखार होळयेची परब पारंपारिक रितीन मनयताना साबार भाविकांनी देव दामोदराक नमन करून उपरांत सगळ्यांक गुलाल लायलो. फातोड्डेचे आमदार विजय सरदेसाय आणि आदले आमदार दामोदर नायक हे दोगूय जाण हाजीर आशिल्ले. जांबावले श्री रामनाथ दामोदर देवस्थान, कटटो आमोणे हांगा श्री चंद्रेश्वर देवस्थान, रिवण हांगा श्री विमलेश्वर देवस्थान, तशेच काणकोण, फोंडा, सांगे ह्या तालुक्यानुय होळयेची परब उमेदीन मनयली.

न्हंयांचो सांबाळ आनी प्रदुशणाचेर नियंत्रण दवरपा खातीर गोवा फॉरवर्डचे आमदार विजय सरदेसाय हे गोंयच्या न्हंयांचो सांबाळ आनी संरक्षण विधेयक विधानसभेंत सादर करतले. हें विधेयक दाखल करपाची नोटीस तांणी विधीमंडळाक दिल्या.न्हंयांचें आयज व्हडा प्रमाणांत प्रदुशण जाता. ह्या प्रदुशणाक आळो घालपा वांगडाच तांची राखण करपाची गरज आसा. ह्याच हेतान हें विधेयक मांडपाची नोटीस सादर केल्ल्याची म्हायती आमदार विजय सरदेसाय हांणी दिली. मजगतीं, आरजीचे आमदार विरेश बोरकार हे लेगीत गोंयच्या न्हंयांचें संरक्षण आनी वेवस्थापन विधेयक २०२६ विधानसभेंत मांडटले. उदकाच्या स्रोतांचो सांबाळ करपा वांगडाच ताचें योग्य तरेन वेवस्थापन जावपा खातीर विधेयक मांडपाची तयारी आमदार विरेश बोरकार हांणी चलयल्या.

थळाव्या संस्थांमदी जापसालदारकी आनी पारदर्शकता घटमूट करपा खातीर कॅग म्हळयार cagन राज्य सचीवांची राष्ट्रीय परिशद घडोवन हाडली .परिशदेक मार्गदर्शन करतना पंचायती राज मंत्रालयाचे सचीव विवेक भारद्वाज हांणी ही परिशद घडोवन हाडपा खातीर कॅगचे उपकार मानले. आमकां खरे कळपाक जाय जाल्यार ऑनलायन ऑडिट हो एक मार्ग, आसा आनी ह्या माळावेले सगळे उणाव पयस करपा सयत उपाय काडपाची गरज आसा अशे ताणी म्हणले .आमी आनीक एक येवजण आंखतात, जातुत ग्राम पंचायती सरकाराची कसलीच मजती खेरीज कसलेच अनुदान वा व्याज अनुदाना खेरीज आपल्या अधिकारा/तल्या मालमत्तेत योगदान दितल्यो अशे ताणी सांगले

पणजी म्हापालिका वेंचणूक लागी पाविल्यान उमेदवारांच्या प्रचाराक नेट आयला . पणजी महापालिका वेंचणुकेंत आमी पणजेकार पॅनला वतीन घराघरांनी वचून मतदारांक मेळपाचेर भर दितात. आमच्यो, रायबंदरच्यो भेटी पुराय जाल्यात. मळ्यान ५० टक्के घरांक भेटी दिल्यात. पणजे वाठारांत भेटी घेवप चालू जालां अशे पॅनेलाचे मुखेली उत्पल पर्रीकार हांणी सांगले. शिगमोत्सवा निमतान महालक्ष्मी देवळाक भेट दिली. तेन्ना तांणी हाजीर- आशिल्ल्या- वांगडा, होळी

मनयली . उपरांत तांणी माध्यमां कडे उलयताना आपणे भेट दिल्ल्या सगल्या वाठारांनी कितें ना कितें समस्या आसात. फाटलीं पांच वर्सां योग्य तरेन कामां जावंक नाशिल्ल्याच्यो कागाळी लोक करतात. रायबंदराच्या मैदाना खातीर संपादीत केल्ले सुवातेच्या शेजराक नगर नियोजन कायद्यांतल्या एकोणचाळीस अ प्रमाण बदल करपाची शक्यताय आशिल्ल्याचें नागरिकांनी सांगलें, अशी माहीती उत्पल पर्रीकार हांणी दिली

स्पोर्ट्स

गोंय विद्यापिठान आयोजीत केल्ली आंतर म्हाविद्यालय पांवड्या वयली व्हॉलिबॉल सर्तीचें वस्तादपण आसगांवच्या ज्ञानप्रसारक मंडळ आनी म्हापशेंच्या सेंट झेवियर्स म्हाविद्यालयाच्या पंगडान मेळयलें.गोंय विद्यापिठाच्या व्हॉलिबॉल कोर्टाचेर सर्तीचें आयोजन केल्लें. बायलांच्या गटांत सेंट झेवियर्स पंगडान निमणे फेरयेत पेडणेंच्या संत सो/हिरो/बा/नाथ अंबिये म्हाविद्यालयाच्या पंगडाक 3-1 अशा फरकांनी हारायलो. दादल्यांच्या विभागात ज्ञानप्रसारक मंडळ म्हाविद्यालयान मल्लिकार्जुन म्हाविद्यालयाच्या पंगडाक 3-0 असो हारायलो.

हवामान 45

पणजी वेधशाळेन नोंद केल्या प्रमाण आयज पणजेत चडात चड तापमान बत्तीस पूज्य चार डिग्री सेल्सिअस जाल्यार उण्यात उणे तापमान तेवीस पूज्य तीन डिग्री सेल्सिअस नोंद जाला. फुडले काय दिस राज्यत हवामान सुकें आणि वताळ आसतले.

**आणि इतल्यान हयो प्रादेशिक खबरो सोपलयो. आकाशवाणी पणजी केंद्राचे मुखावेले प्रादेशिक खबरापत्र तुमका आयकुक मेळटले सांजेच्या सात वरा 2o मिंनटाचेर नमस्कार**